**Panaji national news**

**6.30pm 18 April 2025**

## प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज टेस्लाचे सीईओ एलान मस्क हांचे कडेन उलयतना तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्मार्णाच्या मळार सहकार्याचेर चर्चा केली. सोशल मिडिया पोस्टांत श्री मोदी हांणी म्हायती दिली की तांणी वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर उलयलां, तातूंत ह्या वर्साचे सुरवेक वॉशिंग्टन डी.सी. तशेंच तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माणाच्या मळार अमेरिके वांगडा भागीदारी मुखार व्हरपा खातीर भारताची वचनबद्धताय श्री मोदी हांणी परतून पुष्टी केली.

## सचीव

केंद्रान आयज वेगवेगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांत सचीव नेमले. अर्थ मंत्रालयांत महसूल खात्याचे सचीव म्हणून अरविंद श्रीवास्तवाची नेमणूक जाल्या. सध्या ते प्रधानमंत्री कार्यालयांत अतिरिक्त सचीव म्हणून काम करतात. संरक्षण मंत्रालयांत महासंचालक (अक्विझिशन) म्हणून काम करपी समीर कुमार सिन्हा हाची नागरी विमानन सचीव म्हणून नेमणूक केल्या. सध्या परराश्ट्र वेपार महासंचालक म्हणून काम करपी संतोष कुमार सारंगी हांकां नव्या आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्रालयांत सचीव म्हणून नेमणूक केल्या. निकुंजा बिहारी ढाल हांची संसद वेव्हार मंत्रालयाचे सचीव म्हणून नेमणूक जाल्या.

फाटल्या धा वर्सांत इलॅक्ट्रॉनीक उत्पादनांत पांच पटींनी वाड जाल्या अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. आयज गुडगांवच्या मानेसरांत पत्रकारां कडेन उलयतना श्री वैष्णव हांणी सांगलें, मेक इन इंडिया उपक्रमाक लागून इलॅक्ट्रॉनीक उत्पादन क्षेत्रांत व्हडली उडी आयल्या. फाटल्या धा वर्सांत इलॅक्ट्रॉनिक्साची निर्यातय स पटींनी वाडल्या, आनी ती तीन लाख 25 हजार कोटी रुपया हुंपल्या अशें तांणी सांगलें. श्री वैष्णव हांणी सांगलें, इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादनांत आयज सुमार 25 लाख लोकांक काम मेळटा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हालींच इलॅक्ट्रॉनीक घटक उत्पादन येवजणेक मान्यताय दिल्या, जाका लागून इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन पर्यावरण प्रणाली आनीक खोल जातली आनी नोकऱ्यांची वाड जातली अशेंय मंत्री हांणी सांगलें.

**डॉ. एल. मुरुगन**

म्हायती आनी प्रसारण राज्य मंत्री डॉ. एल. मुरुगन ,१ ते ४ मे दरम्यान मुंबईत होणाऱ्या बहुप्रतिक्षित जागतिक ऑडिओ व्हिज्युअल आणि मनोरंजन शिखर परिषदेच्या तयारीचा आढावा बैठक घेतली. हे बसकेंत केंद्र आनी महाराष्ट्र सरकाराच्या नोडल अधिकाऱ्यांनी वांटो घेतिल्लो. तशेंच शिखर सभेच्या स्थळार जमनीचेर तयारी करपाचो नियाळ मंत्री हांणी केलो.

**उपग्रह आदारीत टोलिंग**

1 मे सावन उपग्रह आदारीत टोलिंग प्रणाली सुरू करपा संबंदी कसलोच निर्णय घेवंक ना अशें सरकारान आयज स्पश्ट केलें. प्रसार माध्यमांच्या विभागांनी केल्ल्या दाव्यांक खंडन करतना रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयान सांगलें, हे संबंदी मंत्रालयान वा राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान कसलोच निर्णय घेतिल्लो ना.टोल प्लाझांतल्यान वाहनांचो विनाशिल, आडखळ मुक्त हालचाल करपाक मेळची आनी प्रवास वेळ उणो करपा खातीर वेंचून काडिल्ल्या टोल प्लाझांचेर स्वयंचलीत क्रमांक प्लेट वळख (एएनपीआर) -FASTag आदारीत आडखळ-उणें टोलिंग प्रणाली चालीक लायतले अशें मंत्रालयान सांगलां. ही पद्दत ऑटोमेटिक नंबर प्लेट वळख तंत्रज्ञान, जें वाहनां तांची नंबर प्लेट वाचून वळखतलें आनी टोल कपात करपा खातीर रेडिओ-फ्रीक्वेंसी वळख वापरपी सद्याची FASTag प्रणाली एकठांय करतली. हे पद्दती खाला, टोल प्लाझांचेर थांबपाची गरज नासतना, उच्च कार्यक्षमताय आशिल्ल्या एएनपीआर कॅमेरे आनी फास्टटॅग रीडर वरवीं तांच्या वळखपत्राचेर आदारीत शुल्क आकारतले. पालन ना जाल्यार, उल्लंघन करप्यांक ई-सुचोवण्यो दितले, जांकां फारीक करूंक ना जाल्यार FASTag आनी हेर VAHAN संबंदीत दंड स्थगीत जावंक शकता.एनएचएआयन एएनपीआर-फास्टॅग आदारीत आडखळ नाशिल्ली टोलिंग पद्दत वेंचून काडिल्ल्या सुवातींनी चालीक लावपा खातीर बोली आपयल्या अशें मंत्रालयान सांगलें. हे पद्दतीक दिल्ले कामगिरी, कार्यक्षमताय आनी

वापरप्यांच्या प्रतिसादाचेर आदारीत देशभरांत ताची अंमलबजावणी करपा संबंदी निर्णय घेतले अशें तातूंत जोडलां.

## रडार उपकरणां

हनांची गती मेजपा खातीर वापरिल्ल्या रडार उपकरणां खातीर केंद्रान नवे नेम अधिसुचोवणी केल्यात, कायदेशीर मापशास्त्र (सामान्य) नेम, 2011 खाला.ग्राहक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान आयज दिल्ल्या निवेदनांत म्हणलां, रस्त्याची सुरक्षीतताय आनी येरादारी अंमलबजावणींत निती वाडोवपाचो हेतू आशिल्ले हे नेम 1 जुलय सावन लागू जातले.

नेमा खाला रडाराचेर आदारिल्ल्या सगळ्या गती मेजपाच्या उपकरणांचेर कायदेशीर मापशास्त्र अधिकार् यांनी सत्यापीत करून मुद्रांक घालपाक जाय.

सत्यापीत केल्ल्या रडार उपकरणांक लागून अचूकता, कायदेशीर पालन, आनी नितळ अंमलबजावणी-पारदर्शकता, लोकांचो विस्वास आनी रस्त्याची सुरक्षीतताय वाडोवपाची खात्री जातली अशें मंत्रालयान सांगलां.

## वर्ल्ड रजिस्टरांत

युनेस्कोच्या मेमोरी ऑफ द वर्ल्ड रजिस्टरांत गीता आनी नाट्यशास्त्राचो आस्पाव केल्ल्याची तोखणाय प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें की ही भारताची कालबाह्य बुद्धी आनी गिरेस्त संस्कृतायेची संवसारीक मान्यताय. गीता आनी नाट्यशास्त्र हांणी शेंकड्यांनी वर्सां संस्कृताय आनी चैतन्याची पोसवण केल्या, आनी तांची अंतर्दृष्टी संवसाराक प्रेरणा दिता अशें तांणी सांगलें

## गुड फ्रायडे

गुड फ्रायडे निमतान आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जेजू क्रिस्ताच्या बलिदानाची याद केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान बरयलां की हो दीस आमकां दयाळपण, करुणा सांबाळपाची आनी सदांच व्हड काळजाचे रावपाची प्रेरणा दिता